**15 नोव्हेंबराक आदिवासी लोकनाच उत्सव**

ता. 11 नोव्हेंबर 2022

कला आनी संस्कृती खात्यावतीन ता.15 नोव्हेंबर 2022 दिसा जनजातीय गौरव दिसानिमतान रविंद्र भवन, मडगांव हांगा सांजेच्या 3.30 वरांसावन आदिवासी लोकनाच उत्सवाचे आयोजन करपात येतले. कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांच्या हस्तुकीं आदिवासी लोकनाच उत्सवाचे उक्तावण जातले.

उत्सवात जागोर, रणमाले, फुगडी, कुणबी नाच, कळशी फुगडी, तोणयामेळ, तालगडी, गोफ आनी हेर आदिवासी लोकनाच प्रकार सादर करपात येतले. ह्या उत्सवाक लोकांक फुकट प्रवेश आसतलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/704

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji